उत्तर प्रदेशात, एका मोठ्या प्रशासकीय फेरबदलात, अलाहाबाद उच्च न्यायालयान ५८२ न्यायिक अधिकाऱ्यांच्यो बदल्यो केल्या. बदली केल्ल्या अधिकाऱ्यांमदीं अतिरिक्त जिल्हो आनी सत्र न्यायाधीश, वरिष्ठ आनी कनिष्ठ विभागाच्या दिवाणी न्यायाधीशांचो आस्पाव आसा.

अलाहाबाद उच्च न्यायालयाचे संयुक्त निबंधक सतीश कुमार पुष्कर हांणी काल सांजवेळार हो वर्सुकी बदली-२०२५ साचो आदेश दिलो. बदली केल्ल्या सगळ्या न्यायाधीशांक बेगोबेग त्यांच्या नवीन पदांचेर रुजू जावपाचो निर्देश दिला.

कानपूरांत सगळ्यांत चड बदल्यो जाल्या, जातूंत १३ न्यायाधीशांची पुनर्नियुक्ती करपात आयल्या. हाचेवांगडाच अलीगढतल्या ११ आणि बरेलीतल्या पाच न्यायाधीशांचीय बदली करपात आयल्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी १९ एप्रिलाक कटरासाकून काश्मीराक वचपी पयल्या वंदे भारत एक्सप्रेस रेल्वेचें लोकार्पण करतले. २७२ किलोमीटर लांबायेची उधमपूर-श्रीनगर-बारामुल्ला रेल्वे लिंक बांदून पूराय जाल्या म्हणपाची म्हायती मेळ्ळया.

पंतप्रधान मोदी १९ एप्रिलाक उधमपूराक पावतले. थंय ते संवसारातल्या सगळ्यांत उंच रेल्वे पुलाक भेट दितले आनी ताचे उक्तावण करतले. उपरांत ते कटरासाकून वंदे भारत रेल्वेक पाचवो बांवटो दाखयतले, अशी म्हायती केंद्रीय मंत्री जितेंद्र सिंह हांणी काल जम्मूत खबराकारांकडे उलयतना दिली. जम्मू स्टेशनाच्या नूतनीकरणाचें काम सुरू आशिल्ल्यान ही सेवा पयलीं कटरासाकून सुरू करतले अशेंय तांणी मुखार सांगलें वर्स १९९७ त बांदपाक सुरवात केल्ल्या भौप्रतिक्षित रेल्वे प्रकल्पक कांय अडचणीच्या भूप्रदेशांकलागून कळाव सोसचो जालो. हांतून ३८ बोगदे, ९२७ पूल आणि आयफेल टॉवरपेक्षाय उंच आशिल्ल्या १,३१५ मीटर लांबायेच्या चिनाब पूलाचो आस्पाव आसा.

ही रेल्वे सेवा जम्मू ते श्रीनगर प्रवासाचो बरोच वेळ उणो करतली. ह्या सेवेक लागून दोनूय वाठांरातली कनेक्टिव्हिटी सुधारतली अशें मत अधिकाऱ्यांनी उक्तायलां.

आयुष्मान भारत योजनेअंतर्गत आतामेरेन १५ कोटी अस्तुऱ्यांच्या स्तन-कांक्राची तपासणी करपात आयल्या अशें केंद्रीय भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणीं सांगलें.

नवी दिल्लीत 'ब्रेस्ट इमेजिंग सोसायटी ऑफ इंडिया' हांणी आयोजित केल्ल्या 'मिडटर्म बिसिकॉन-२०२५' ह्या कार्यावळीत उलयतना तांणी ही म्हायती दिली. देशभरात २०० डेकेअर कांक्राची केंद्रां स्थापन जातलीं अशेंय तांणी मुखार सांगलें. निरोगी जीवनशैली, जागरूकताय, वेळार तपासून उपचार केल्यार स्तनाच्या कांक्राकलागून मरण येवप्यांचो आंकडो उणो जावपाक शकता हाचेर मंत्र्यांनी भर दिलो. जागरूकता नाशिल्ल्यान हें दुयेस जावपी पिडीतांचो आकडो वाडता अशें मत तांणी उक्तायलें. सरकार ह्या दुयेसाआड लडाय दिवसाच्या बाबतीत खूप गंभीर आसा अशेंय तांणी मुखार सांगलें.

वर्साकणकणीं, भारतात कांक्राचे १.४ दशलक्ष नवे दुयेंती सापडटा, जांतूत स्तन-कांक्राचे सुमार दोन लाख रुग्ण आसता अशें केंद्रीय भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणीं सांगलें.

आयज अरुणाचल प्रदेश, कोंकण आनी गोंय, महाराष्ट्र, गुजरात प्रदेश, त्रिपुरा आनी केरळांत कांय सुवातींचेर वादळ-वारें, वीज पडपासयत  गडगड मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज सौराष्ट्र आनी कच्छासयत कांय सुवातींचेर गरमेचें ल्हार पातळपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.  आसाम, त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी आंध्र प्रदेश, केरळाच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी उश्ण आनी दमट वातावरण उरपाची शक्यताय आसा अशें वेधशाळेन कळीत केलां. तशेंच फुडल्या 3 दिसांत देशाच्या वायव्य वाठारांनी चडांत चड तापमानांत 5.7 डिग्री सेल्सियस वाड जावपाची शक्यताय आशिल्ल्याचें वेधशाळेन कळीत केलां

युक्रेनांत चालू आशिल्ल्या झुजाक लागून अमेरिकेचे राश्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी रशियेचो अध्यक्ष व्लादिमीर पुतीनाचेर खर राग उक्तायला. युक्रेनचो अध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांच्या विस्वासपात्रतेचेर प्रस्नचिन्न उबें केल्ल्यान डोनाल्ड ट्रम्प हांणी खबरां चॅनलाक दिल्ले मुलाखतींत व्लादिमीर पुतीनाचेर  टिका केली. रशियेन झुजबंदी मान्य ना जाल्यार रशियेचें तेल विकतें घेवपी देशांचेर 50 टक्क्यां मेरेन शुल्क लादतले अशी शिटकावणी डोनाल्ड ट्रम्प हांणी दिल्या. तशेंच झुज चालू उरल्यार अमेरिकेंत येवपी रशियन तेल आनी हेर वस्तूंचेर 25 टक्के शुल्क लावपाची धमकीय तांणी दिल्या.

युरोपीय फुडाऱ्यांक ताच्या भुमिकेचो हुस्को आशिल्लो, पूण हालींच्या काळांत ताणें केल्ल्या टिप्पण्यांक लागून चड खर भूमिकेचो संकेत मेळटा.

व्लादिमीर पुतीनाचेर टिका करून लेगीत, रशियन फुडाऱ्या कडेन आपले अजूनय बरे संबंद आसात अशें डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें.

युक्रेनाचो अध्यक्ष झेलेन्स्की हाणें ताका जाप दितना रशियेन शांततायेचे यत्न थांबयल्यात असो आरोप केलो आनी अमेरिके आनी ताच्या इश्ट राश्ट्रांनी खर प्रतिसाद दिवचो असो उलो मारलो.